Akashwani Panaji 2nd August 2026 National news 8.40 am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान विकसित भारत संकल्प अभियानाखाला नशा मुक्त युवा मोहीम सुरू करतले.
- उझबेकिस्तानाचे विदेश वेव्हर मंत्री Saidov Bakhtiyor Odilovich आयच्यान ह्या म्हयन्याच्या 5 तारखे मेरेन भारताचा दौर्यार आसतले .
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांनी भोगापुरांत अल्लूरी सीतारामा राजू आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचें उक्तावण केल्ल्या खातीर आंध्र प्रदेशाचे मुख्यमंत्री एन चंद्रबाबू नायडू हांणी मंत्री आनी अधिकाऱ्यांक परबीं दिल्यात.
- ग्लासगोंत सुरु आशिल्ल्या राष्ट्रकुल खेळां सर्तीच्या धाव्या दिसा चार खेळा प्रकारांत 16 पदकां मेळोवन भारत पदक तालिकेत चवथ्या सुवातेर पावला.

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान विकसित भारत संकल्प अभियानाखाला नशा मुक्त युवा मोहीम सुरू करतले. ह्या उपक्रमातल्यान घुवली वाख्दांचो दुरुपयोग आड देशभरांतल्या शंबर सप्तकांचो जन भागीदारी मोहीम सुरू जातली. देशभरांतले 10 हजारां वयर सुवातींनी तरणाटे ह्या कार्यावळींत वाटेकर जातले. तशेंच माय भारत स्वयंसेवक, माय भारत राष्ट्रीय सेवा येवजणेचे स्वयंसेवक, युव क्लब, शाळा, म्हाविद्यालयां, विद्यापिठां,बिगर सरकारी संघटना, उद्देगीक संघटनांचे युवक आनी 125 परस चड भागीदार आध्यात्मिक संघटनाय ह्या कार्यावळींत आभासीपणान वाटेकर जातली. हे मोहिमे खाला देशभर दर आयतारा सप्तकी कार्यावळी घडोवन हाडून जागृताय वाडोवपाक आनी घुंवळी वखदां पासून मुक्त समाज उबारपाक लोकांचो वांटो घेवपाक प्रोत्साहन दितले. ह्या कार्यावळींनी खेळां कार्यावळी, वॉकथॉन, ध्यान सत्रां, सांस्कृतीक कार्यावळी, जागृताय मोहीम, नुक्कड नाटक, चर्चा माची , कला सर्ती ह्या कार्यक्रमांचो आस्पाव जाता. तरणाट्यांक घुंवली वखदांचो दुरुपयोग करपा पासून पयस रावपाक प्रेरणा दिवप

आनी तांकां तांच्या समाजांतल्या सकारात्मक समाजीक बदलाचे राजदूत जावपाक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या उपक्रमाचो हेत आसा.

Pm

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आंध्र प्रदेशात विजयनगरम जिल्ह्यातल्या भोगपुरम हांगा 'ग्रीनफील्ड अल्लुरी सीताराम राजू आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचे' उक्तावण केले. नव्या विमानतळाचें म्हत्व अधोरेखित करतना प्रधानमंतत्यान म्हले कि स्वातंत्र्य झुजारी अल्लूरी सीताराम राजूच्या नांवान तयार केल्लो हो विमानतळ, आदिवासी समाजाच्या हक्कां खातीर झुजतना आपल्या प्राणांचे बलिदान दिले त्याच जमनीचेर उक्तावण करप ही अत्यंत अभिमानाची गजाल. आंध्र प्रदेशच्या प्रगती खातीर हो विमानतळ म्हत्वाचो आधार जातलो अशें तांणी सांगलें.

आंध्र प्रदेश आनी देशाच्या उदरगतींत देशांतल्या तरणाट्यांची प्रतिभा आनी तांक हाची चड म्हत्वाची भुमिका करपाक जाय अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. हें मतींत घेवन सरकारचे लक्ष सेमीकंडक्टरसारख्या तंत्रगिन्यानाचे उद्देग उबारपाचेर आसा अशें तांणी सांगलें.

उत्तर आंध्रच्या समृद्ध आदिवासी संस्कृतीचे दर्शन घडोवपी, १३,५०० परस चड आदिवासी बायलांनी सादर केल्ले पारंपरिक 'थिम्सा' नृत्यय ताणी पळयले.

Uzbekistan

उझबेकिस्तानाचे विदेश वेव्हर मंत्री Saidov Bakhtiyor Odilovich आयच्यान ह्या म्हयन्याच्या 5 तारखे मेरेन भारताचा दौर्यार आसतले . विदेश वेव्हार मंत्रालयाच्या

म्हणण्या प्रमाण Odilovich आपल्या भेटी वेळार राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मूची भेट घेतले आनी विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकरांचीय भेट घेतले . दिल्लींतल्या वेवसायीक माचयेत ते हाजीर रावपाचे आसात.

President

राष्ट्रपती भवनात आयज सकाळीं जाल्ल्या सुवाळ्यांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी धांवड्यो 'Bodyguard Soldierathon' पाचवो बावतो दाखयलो . मिझोरामाचे गव्हर्नर जनरल व्ही.के.सिंगूय ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत राष्ट्रपतींनी सांगलें की, 'सैनिकां खातीर धांव, सैनिकां वांगडा धांव' ह्या दृश्टीकोनान मार्गदर्शन केल्ल्या नागरीक आनी सशस्त्र दळां मदलें नातें घटमूट करपा खातीर Soldierathon एक आगळोच माची म्हूण काम करता. 'खऱ्या नायकांक आदार दिवप - भारताच्या सशस्त्र दळाक' ह्या विशयाचेर केंद्रीत आशिल्ली ही कार्यावळ राश्ट्रांच्या सैनिकांच्या समर्पणाक, धैराक आनी बलिदानाक श्रद्धांजली दिता आनी तेच बरोबर नागरिकांक सक्रिय सहभागांतल्यान तांचे कडेन आपलो एकचार उक्तावपाक प्रोत्साहन दिता.

Trade

भारत आनी चीन हांचेमदीं सुमार स वर्सांच्या अंतरान हिमाचल प्रदेशांतल्या किन्नौर जिल्ह्यांतल्या शिपकी-ला वरवीं शिमेभायर वेपार परतून सुरू जाला. महसूल मंत्री जगतसिंह नेगी हांणी किन्नौर जिल्ह्यांतल्या पूह उपविभागांतल्या नामग्या ह्या शिमेवयल्या पंचायतींतल्या छुपन ट्रेड मार्टाचें उक्तावण केलें आनी शिमेभायर वेपार सुरू करपा खातीर 17 वेपाऱ्यांच्या पंगडाक बावतो दाखयलो . कोवीड महामारीच्या प्रकोपा उपरांत 2020 वर्सा सावन हो वेपार स्थगीत आशिल्लो.

Neet

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी राष्ट्रीय पात्रताय-सह-प्रवेश चांचणी (NEET-PG) 2026 खातीर तयारेचो नियाळ घेतला. हाका जाका लागून परिक्षा सुगम, सुरक्षीत, पारदर्शक आनी तंत्रज्ञान सक्षमपणान चलतली . ही परिक्षा ह्या म्हयन्याचे 30 तारखेक जावपाची आसा.हे बसकेंत मंत्री नड्डा हांणी वैजकी विज्ञानांतल्या राष्ट्रीय परिक्षा मंडळाची , तंत्रज्ञान भागीदार आनी परिक्षा घेवपाक वावुरपी हेर भागधारकांची तयारी कितली मुल्यांकन केलें. परिक्षा रसद, उमेदवारांक सुलभताय उपाय, सुरक्षा आनी नीट-पीजी 2026 खातीर सुरू केल्ल्या तंत्रज्ञानान चालना दिवपी हस्तक्षेपां विशीं तांकां म्हायती दिली. प्रामाणीकपण आनी सुरक्षेच्या उंचेल्या पांवड्याक पाळो दितनाच नितीमत्व, पारदर्शक आनी उमेदवारांक अनुकूल परिक्षा सुनिश्चीत करपा खातीर सगळे यत्न करचे पडटले हाचेर मंत्रीमंडळान भर दिलो

Grants

केंद्र सरकारान 10 ऑगस्टाक जावपी नेमान म्हयन्याळ्या हस्तांतरणाच्या अतिरिक्त हप्त्या प्रमाण राज्य सरकारांक एक लाख णव हजार एकोणीस कोटी रुपया हस्तांतरित केल्यात.,मंत्रालयान जाहीर केल्ल्या प्रमाण उत्तर प्रदेशाक सगळ्यांत चड ते म्हळ्यार 19,208 कोटी रुपया, बिहाराक 10,845 कोटी आनी मध्य प्रदेशाक 8,010 कोटी रुपया मेळ्यात . अस्तंत बंगालाक 7,866 कोटी आनी महाराष्ट्राक 7,022 कोटी रुपया मेळ्यात . ल्हान राज्यांक आनी केंद्रशासीत प्रदेशांकय आपलो वाटो मेळ्यात , सिक्किमाक 365 कोटी रुपया, गोंयाक 398 कोटी आनी नागालँडाक 524 कोटी रुपया मेळ्यात

Imd

भारतिय हवामान खात्यान आयज कर्नाटक, केरळ, माहे, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, राजस्थान, हिमालय अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात उटानगराचो

पावस पडपाचो  अदमास उक्तायला आणि  orange अलर्ट जारी केला . फुडल्या 2 दिसांनि  दिल्ली, हरियाणा, पंजाब, चंडीगढ, उत्तराखंड, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, आनी लद्दाखत घोग्यांनी  पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. मजगती आज गोंयांत मध्यम ते उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.

sports

ग्लासगोंत सुरु आशिल्ल्या राष्ट्रकुल खेळां सर्तीच्या धाव्या दिसा चार खेळा प्रकारांत 16 पदकां मेळोवन भारत पदक तालिकेत  चवथ्या सुवातेर पावला.. या कामगिरी खातीर  भारताची एकूण पदकांची संख्या ३९ वर पावल्या जातुन  १३भांगरा  पदक , १७ रौप्य आणि ९ कांस्य पदकांचा आस्पाव  असून, बॉक्सिंगच्या खेळगाड्यांची आघाडी घेतल्या. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आणि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानी विजेत्याक परबी दिल्यात

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान विकसित भारत संकल्प अभियानाखाला नशा मुक्त युवा मोहीम  सुरू करतले.
- उझबेकिस्तानाचे  विदेश वेव्हर मंत्री  Saidov Bakhtiyor Odilovich आयच्यान ह्या म्हयन्याच्या 5 तारखे मेरेन भारताचा  दौर्यार आसतले .
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांनी भोगापुरांत अल्लूरी सीतारामा राजू आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचें उक्तावण केल्ल्या खातीर आंध्र प्रदेशाचे मुख्यमंत्री एन चंद्रबाबू नायडू हांणी मंत्री आनी अधिकाऱ्यांक परबीं दिल्यात.
- ग्लासगोंत सुरु आशिल्ल्या राष्ट्रकुल खेळां सर्तीच्या धाव्या दिसा चार खेळा प्रकारांत 16 पदकां मेळोवन भारत पदक तालिकेत  चवथ्या सुवातेर पावला.